**प्रधानमंत्री**

जस्थानांत आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जयपुर गांवगिऱ्या लोकसभा मतदारसंघा खाला कोटपुतली हांगा वेंचणूक रॅलींत उलोवप करतले. प्रधानमंत्री मोदी मोलाहेरा गांवांतल्या बसकेच्या सुवातेर सुमार 1.30 वरांचेर पावतले. जयपुर ग्रामीण लोकसभा मतदारसंघात उबे राविल्ले पक्ष उमेदवार राव राजेंद्र सिंग हाँका तेंको दिवपा खातीर कोटपुतलींत जावपी हे भौशीक सभेत प्रधानमंत्री मार्गदर्शन करतले. वैचणूक वेळापत्रक जाहीर जाले उपरांत राजस्थानांत जावपी लोकसभा वैचणुके खातीर प्रधानमंत्र्यांची ही पयली बसका. राजस्थानांत लोकसभा वेंचणूक 19 आनी 26 एप्रीलाक दोन पांवड्यानी जातली.

**चीन 150**

मेरेन शिमेचेर ताण उरता तो मेरेन पाकिस्ताना कडेन वेपार करपाची शक्यताय ना अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी सांगलां. मंत्री जयशंकर काल सूरतांत दक्षिण गुजरात वाणिज्य आनी उद्देग मंडळान आयोजीत केल्ल्या "भारताची अर्थीक उदरगत" ह्या विशयाचेर कॉर्पोरेट शिखर सभेत उलयताले. खंयच्याय रुपांत आतंकवाद सॉसचे नात अशें तांणी सांगलें.

अरुणाचल प्रदेशाचेर चीनान केल्ल्या दाव्याविशी उलयतना अरुणाचल प्रदेश हें भारतीय राज्य आसून तें सदांच भारतीय राज्य आसतलें आनी नांवां बदलून ही गजाल बदलची ना अशें मंत्री डॉ एस जयशंकर हाणी सांगलें. मजगतीं, अरुणाचल प्रदेशातल्या 30 सुवातानी चीनान बेकायदेशीर रितीन 'मानक' केल्ल्या भौगोलिक नांवांचो खर निशेध केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत चीन सगले (नराधार दावे करता पूण ताका लागून वास्तवांत आनी 'इतिहासीक तथ्यांत' बदल जावचो ना अशें मंत्री रिजिजू हाणी सांगलें.

अरुणाचल प्रदेश हो भारताचो अविभाज्य भाग आनी अरुणाचल प्रदेशांतले लोक सगळ्या मानकां प्रमाण आनी व्याख्यां प्रमाण भारतीय आसात अशे ताणी स्पष्ट केले.

**कोळसो मंत्री प्रल्हद जोशी: 110**

भारतांत कोळसो आनी लिग्नाइट उत्पादन पयलेच खेपे एक अब्ज टनाचे आंकडो हुंपला अशी म्हायती कोळसो मंत्री प्रल्हाद जोशीन काल दिली. सरकाराच्या अनुकूल आदारान क्षमता विस्ताराक लागून फाटल्या धा वर्सात कोळसो आनी लिग्नाइट उत्पादनांत 70 टक्क्यां परस चड वाड जाल्या अशें तांणी सांगलें हो अद्भुत मार्गदर्शक फातर हुंपपा खातीर तांणी संबंदीत सगल्यांक परबीं दिली.

कोळसो आनी लिग्नाइट उत्पादनांत एक अब्ज टन निशाण हुंपप हो भारता खातीर इतिहासीक मार्गदर्शक तत्वां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें जें कोळसो क्षेत्र जिवंत सुनिश्चीत करपा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय दाखयता / हैं। एक उल्लेखनीय पराक्रम अशें तांणी सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टात श्री प्रधानमंत्री देशांत नरेंखें मोदी हांणी सांगलें, हाका लागून भारताचो मुखेल क्षेत्रांनी आत्मनिर्भरतायेचो मार्ग सुनिश्चीत जाता.

**STORY 130**

जपा बडिल फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज कर्नाटकाक भेट दितले. सकाळीं तो बेंगळुरुत शक्ति केंद्र पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक मार्गदर्शन करतले 3 आनी उपरांत बेंगळुरु ग्रामीण लोकसभा करतले मतदारसंघाचो एक भाग आशिल्ल्या चन्नापट्टना हांगा रोड शो अमित शाह आयज पांच लोकसभा मतदारसंघांतल्या पक्ष कार्यकर्त्यांकडेन उलोवप करतले अशी भाजपाचे प्रदेश सरचिटणीस आनी वैचणूक वैवस्थापन समितीचे निमंत्रक व्ही सुनील कुमार हांणी

खबराकारांक म्हायती दिली. तशेंच आयज पांच मतदारसंघांची समिती वांगड्यांची बसका जातली.

दुसरे वटेन तेलंगणात जावपी लोकसभा वैचणुकेच्या उमेदवारांचे नांव थारावपा खातीर कॉँग्रेसीची केंद्रीय वैचणूक समिती बसका नवी दिल्लींत जाली. है बसकेंत पक्षाचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे पक्षाच्यो वडिल कुडारी सोनिया गांधी, तेलंगणाचे मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले / तांणी फुडें जावपी लोकसभा वेंचणुके खातीर दोन उमेदवारांची वळेरी जाहीर केली. अभय काशीनाथ पाटील महाराष्ट्राच्या आकोला थावन वेंचणूक लढयतले जाल्यार कदियाम काव्या तेलंगणाच्या वारंगालांतल्यान वेचणुक लढतली.

**OTTARAKHAND ELECTION CAMPAIGN 60**

धानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांत नैनीताल उधमसिंह नगर लोकसभा मतदारसंघातल्या रुद्रपूरांत लोकसभा वैचणूकेखातीर पयल्या वैचणूक रॅलीत उलोवप करतले. करतते. हे सुवातेर भाजपाचे उमेदवार आनी राज्यमंत्री अजय भट्ट कॉँग्रेसीचे उमेदवार प्रकाश जोशी हांचे आड लढो दिता.

राज्यांतल्या पांचूय लोकसभा सुवातांचेर पयल्या पांवड्यार 19 एप्रीलाक सक्तीस णवरी चौरा मतदान जावपाचें आसा. राज्यांतले वह 83 लाख 37 हजार 914 मतदार राज्यांतल्या पांच लोकसभा सुवातांचेर लढो दिवपी 55 उमेदवारांचे नशीब थारायतले.

**उश्णता १९५**

गोंया सयत देशभरांत उष्णता वाडिल्ल्यान ताचो हुलोप सद्या जाणवपाक लागला कांय राज्यांनीं उष्णता ४० अंशाच्या वयर गेल्या. उष्णतेच्या ह्या ल्हारांतल्यान

वाटावपा खातीर भलायकी खात्यान नागरिकां खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी / केल्यां शक्य आसल्यार दनपारच्या वेळार सुर्याच्या किरणां पासून पयस रावचें आनी सेगीत उदक पियेवचें असो सल्लो भलायकी खात्यान दिला. दिला. गोंयासयत देशभरांत गरमी बरीच वाडिल्ल्यान हे परिस्थितींत घुंवळ येवप, अशक्तपणा जाणवपाक शकता. तशेंच आंगांत उदक कमी जाल्ल्यान डीहायड्रेशनाची समस्या उप्रासूक शकता. तेन्ना आंगांत उदक उणें जावचें न्हय हाची जतनाय घेवची अशें भलायकी खात्यान म्हळां. उश्णतेक लागून तकली जड जावप आनी वेदनां जाणवप, प/ तोंड सुकें पडप, ताप येवप, घुंवळ येवप, ओंकारे येवप आंग दुखप, शरिराचें तान लागप अशो समस्या उप्रासतात आनी त्रास जावपाक तापमान चड आसूनय घाम येनां चड लागता खर वतान राविल्ल्यान आनी उश्णतेच्या चड काळ संपर्का खातीर आंगातलें उदक उणें जाता हैं टाळपा खातीर | खबरदारी घेवप गरजेचें आसा. उश्णतेंत गरज आसल्या बगर घरा भायर वच्चे न्हय. वतांत वचचें पयलीं तकली आनी कान वेवस्थीत कपड्यान गुटलावचे. तशेंच मोव सुती कपड्यांचो वापर करचो, चड घाम आयल्यार ओ आर एस पिचेवचें. घुंवळ वा मळमळ जाता आसत जाल्यार सावळेक विसव घेवचोये थंड पिवपाचें उदक, लस्सी, ज्यूस, ताक आनी हेर पेयां पियेवचीं अशें भलायकी खात्यान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांनीं म्हळां.

**जम्मू-काश्मीरः 110**

जम्मू-काश्मीरांत लेफ्टनंट गव्हर्नर मनोज सिन्हा हांणी काल राजभवन जम्मू हांगा तरणाटो नवोदित मास्टर कर्मन सिंगाक मेळ्ळे, जांणी कोयर विलो लावपाचेर नियंत्रण आनी क्रमवारी करपाक सज्ज आशिल्ल्या अभिनव स्मार्ट डस्टबिनाचें ब्रिटीश पेटंट मेळयलां जम्मूच्या जोधामल पब्लिक स्कूलांतल्या 10व्या वर्साच्या कर्मण सिंगाक एलजीन ताच्या अपवादात्मक LLG यामी कामगिरी खातीर परबी दिली आनी फुडल्या वावराक बरी शुभेच्छी दिलो आकाशवाणीच्या

कामना केल्या अशें एआयआर जम्मूच्या एका संवाददारान म्हळा. व्यापक प्रणाली डस्टबिन स्थितीचो रियल-टायम ट्रॅकिंग आनी भरपाच्या पातळेचो आपोआप सोद जोडटा, वेळार कोयर एकठांय करपाची खात्री करता आनी निवळ शारी वातावरण सांबाळटा. कर्मण हो भारतांतलो एकूचतरणाटो ब्रिटीश पेटंट मेळोवपी जालो, ह्या कामगिरीन ताका एकदम वेगळ्योच नवनिर्माण याच्या लीगाल उड्यलो. कर्मणाचो हो सोद शारांतल्या कोयर वेवस्थापनांत उडी मारता आनी देशांत स्मार्ट सिटी स्थापन करपाचें सरकाराचें सपन आसा. पुराय करता.

**IMD: 190**

अस्तंत हिमालयाच्या वाठाराचेर शिंपडिल्लो हळुवार ते मध्यम पावस आनी बर्फ पडपाची शक्यताय आसा अशें भारत हवामान खात्यान सांगलां. फुडल्या तीन दिसांत जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगित- बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद आनी हिमाचल प्रदेशाचेर आनी 3 आनी 5 एप्रीलाक उत्तराखंड आनी ह्या म्हयन्यांत 4 आनी 5 एप्रीलाक अस्तंत उत्तर प्रदेशाचेर गडगड आनी बीज पडपाचो अदमास हवामान खात्यान जोगना मारपाचो उक्तायला. तशेंच एक चक्रीवादळ परिभ्रमण ईशान्य आसामाचेर आनी दुसरें ईशान्य बिहाराचेर उण्या उश्ण कटिबंधीय भारत रखमान बात्यान पांवड्यार आसा अशें आयएमडीन सांगला. उश्ण कटिबंधीय उण्या वाठारांत बंगालच्या उपसागरांतल्यान व ईशान्य राज्यांनी चड ओलसाणीचो प्रवाह जाता अशें तातूंत म्हणला. ताच्या प्रभावा खाला उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत फाल्यां मेरेन फुडल्या सात दिसांनी गडगड आनी वीज पडमा सयत शिंपडून हळुवार ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. आसा 5 एप्रील मेरेन अरुणाचल प्रदेशाचेर व्हड पावस आनी बर्फ पडपाची शक्यताय आसा आनी आयतारा मेरेन आसाम आनी मेघालयाचेर एकसुरे सुवातेर पावस पडपाची आसा. शक्यताय आसा. फुडल्या तीन दिसांत मध्य प्रदेश, विदर्भा, उत्तर अंतर्गत / कर्नाटक आनी तेलंगणा हांगा उश्णताय ल्हार येतली टक). 1. उक्तायला रायलासीमा, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला, कोस्टल आंध्र

प्रदेश, केरळ, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी ओडिशा हांगा उश्ण आनी दमट परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. आसा भारत हवामान खात्यान मजगतीं, आयएमडीन दिल्लीत खर वारें आनी अंशतः दमट जावपायो ढगाळ मळबाचो अदमास काडला. चडांत चड तापमान सुमार 33 अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा त्यातील

**RUSSIA: 100**

रशियेच्या पयसुल्ल्या उदेंत अमूर वाठारांतल्या पायनियर भांगरा खणीच्या कोळशांत आडखून पडून तेरा खणकामदारांक मरण आयिल्ल्याचें जाहीर जालां. पायनियर भांगरा खणींतली सोडवणूक कार्यावळ अधिकृतपणान थांबयल्या दोन सप्तकां आदीं रशियेंतल्या चीनी शिमे लागसारच्या भांगराच्या खणींत हो अपघात जाल्लो, विध्वंसक भूयकांपाक लागून 13 खणकामदार जमनीपोंदा 120 मीटरां परस चड अंतराचेर पुरले. देखून एक निराश सोडवणूक कारवाय सुरू जाली.

उपरांत कोसळपाचो धोको आनी सोडवणदारांक धोको आशिल्ल्यान ही कारवाय थांबयली. सोडवणूक कारवाय सोंपतकच खणींत प्रवेशाचेर बंदी घाली. सध्या आनीक एक कोसळपाचो धोको ना करपा खातीर तज्ञ कामाची तयारी करतात.

कायद्याची अंमलबजावणी करपी अधिकाऱ्यांनी घडणुके उपरांत कांय दिसांनी खणीच्या वेवस्थापकीय संचालकाक ताब्यांत घेतलो आनी उपरांत ताका ताब्यांत घेतलो.